# डिसेंबर म्हयन्याचो रेशन कोटा

ता. 20 नोव्हेंबर 2025

फुडल्या डिसेंबर म्हयन्या खातीर अंत्योदय अन्न येवजण रेशन कार्डधारकांक रेशन कार्डाफाटल्यान 35 किलो फोर्टिफाईड तांदुळ फुकट दितले. प्राधान्यक्रम कुटुंबांक लावधारका फाटल्यान 5 किलो फोर्टिफाईड तांदुळ फुकट दितले.

एपीएल कार्डधारकांक 12.50 रूपया दरान प्रती कार्ड 12 किलो फोर्टिफाईड तांदुळ आनी 10 रूपया दरान 10 किलो गंव दितले.

कल्याणकारी संस्थां येवजण कार्डधारकांक फोर्टिफाईड तांदुळ 6.15 रूपया किलो आनी गंव 4.80 रूपया किलो दरान वितरीत करतले.

येरादारी कंत्राटदारान धान्य कोटा 30 नोव्हेंबर मेरेन व्हरून सवाय धान्य दुकानदारांक पुरवण करची. रेशन कार्डधारकांनी आपलो रेशन कोटा संबंदीत सवाय धान्य दुकानातल्यान व्हरपाक जाय. धान्याविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार रेशन कार्डधारकांनी संबंदीत मामलेदार वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन करची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/892

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.